## कला आनी संस्कृती मंत्र्याहस्तूकीं ''ओसे कार्नव्हाल'' पुस्तकाचे विमोचन

ता. 7 जानेवारी 2019
17 पौष 1940

कला आनी संस्कृतीमंत्री श्री. गोविंद गावडे हांचे हस्तूकीं शेनवारा आल्तिन-पणजे हांगा जाल्ल्या अभिनय पणजीच्या पयल्या वर्सूकी दिसाच्या कार्यक्रमात ''ओसे कार्नव्हान'' पुस्तकाचे विमोचन जाले.

हया वेळार उलयताना श्री.गावडे हांणी पुस्तकाचे बरोवपी आनी अभिनय पणजी संस्थेक परबी भेटोवन प्रत्येक भुरगे हे कलाकार आसता. पूण जेन्ना हे भुरगे व्हड जाता तेन्ना ते कलाकार म्हुण कशें उरतले हो प्रस्न आसा, अशें म्हणले. कलाकाराक आर्थिक मदत मेळप गरजेचे आसा आनी ते खातीर सरकारान गोंयच्या कलाकारांक सदाच मदत करपाक फुडाकार घेतला. प्रत्येक मनशाच्या आंगात कलागुण आसून तांणी कला आनी संगीताच्या वेगवेगळया क्षेत्रात आपले योगदान दिवपाची गरज आसा, अशेंय तांणी सांगले.

गोंय राज्य साधनसुविधा विकास महामंडळाचे उपाध्यक्ष श्री. सिध्दार्थ कुंकळ्येकर, पणजी महापालिकेचे उपमहापौर श्रीमती अस्मिता केरकर, श्री. पुंडलिक रावत देसाय, म्हायती अधिकारी श्री. जॉन आगियार आनी समिक्षक श्री. निलेश बुगडे हया वेळार हजर आशिल्ले.

हया वेळार महेश नाईक हांणी बरयिल्ल्या ''आलतडचे पिशे'' हया नाटकाचो प्रयोग जालो.

सुरवेक अभिनय पणजी संस्थेचे खजिनदार श्री. राजेंद्र शेटये हांणी मानेस्ताक येवकार दिलो. अक्षरा नाईक हांणी कार्यक्रमाचे सूत्रसंचालन केले तर कैलाश नाईक हांणी निमणे उपकार मानले.

मा/सप/जीपीपी/जॉआ/विगां/सुसुका/2019/16